**उदयपूर हांगा Goa@60 रोड शोक बरो प्रतिसाद**

ता. 16 सप्टेंबर 2022

माहिती आनी प्रसिध्दी संचालनालया वतीन गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळान सेलिब्रेशन मॉल, उदयपूर, राजस्थान हांगा आयोजीत Goa@60 रोड शोचे उक्तावण राजस्थान सरकारच्या पर्यटन विभागाचे उप संचालक श्रीमती शिखा सक्सेना, डीआयपीआर चे उप संचालक श्री कमलेश शर्मा हांच्या हस्तुकीं आयज जाले.

गोंय सरकाराच्या पर्यटन खात्याचे उप संचालक श्री राजेश काळे, गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळाचे सरवेवस्थापक श्री दीपक नार्वेकर, माहिती आनी प्रसिध्दी संचालनालयाचे माहिती अधिकारी श्री ऑल्विन परेरा, पर्यटन खात्याचे सहाय्यक संचालक श्री रॉडलिन मास्कारेन्हास आनी माहिती आनी प्रसिध्दी संचालनालयाचे सहाय्यक माहिती अधिकारी श्री किरण मुनानकर हया वेळार उपस्थित आशिल्लें.

रोड शो खातीर उदयपूरची निवड केल्याबद्दल गोंय सरकारची तोखणाय करतना श्रीमती सक्सेना हांणी सांगलें की, उदयपूर आनी गोंय ही दोनीय आपल्यापरीन पर्यटन स्थळा आशिल्ल्यान तांचेमदी साम्य आसा आनी अशा उपक्रमातल्यान सांस्कृतिक देवाणघेवाण जावन पर्यटनाक प्रोत्साहन मेळटा. पर्यटकांक दुसऱ्यां राज्यातल्या समृद्ध सांस्कृतिक वारसो आनी संस्कृतीची वळख जावपाक मदत जाता.

श्री शर्मा हांणी गोंय सरकारन आयोजीत केल्ल्या रोड शो चेर समाधान उक्तायतना अशें कार्यक्रम लोकांक एकठाय हाडटा आनी पर्यटकांक आकर्शीत करता अशें म्हणलें.

पर्यटन खात्याचे उप संचालक श्री राजेश काळे हांणी गोंयांत येवपी पर्यटकांची संख्या वाडोवपाखातीर खात्यान उद्दिश्ट निश्चित केल्ल्याचे सांगून गोंय हे जगाच्या नकाशाचेर एक फामाद पर्यटन स्थळ आसा, अशें सांगलें.

गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळाचे सरवेवस्थापक श्री दीपक नार्वेकर हांणी गोंय @60 रोड शो वरवीं देशांतल्या विंगड विंगड शारांतल्या लोकांकडेन मोठ्या प्रमाणात संपर्क साधपाक आनी गोंयची संस्कृती आनी गोंयान मुक्तिउपरांतच्या 60 वर्सांत केल्ल्या प्रगतीचे प्रदर्शन करपाक तशेंच हेर राज्यांतल्या पर्यटकांक गोंयचो सोबीत सैम, संस्कृती आनी वारशाचो अणभव घेवपाक आमंत्रीत करपाक मदत जाता अशें सांगलें.

गोंयाक उदयपूरावांगडा आपले नाते आनीक घट करपाचे आसा. गोंयासारखेच उदयपूर लेगीत एक फामाद पर्यटन स्थळ आसून पर्यटकांक गोंयात येवपाक आकर्शीत करपाखातीर आनी उदयपूरच्या लोकांकडेन संवाद साधपाक हो रोड शो आयोजीत करपाक आनंद जाता, अशें श्री ऑलविन हांणी सांगलें.

उक्तावणा उपरांत गोंयच्या कलाकारांनी सादर केल्ल्या लोकनाच आनी हेर सांस्कृतीक कार्यक्रमांक प्रेक्षकांचो बरो प्रतिसाद मेळ्ळो.

गोंय@60 संकल्पनेचेर भारतात्या स शारांनी रोड शो आयोजीत केला आनी पयलो शो हालीच अहमदाबाद हांगा जालो. उदयपूर उपरांत वाराणसी, मदुराय, तिरुवनंतपुरम आनी म्हैसूर शारांत रोड शो जातलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/544

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji